<u>**राज्यपाला कडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्यांची परबीं**</u>

पणजीः ता. १७ ऑक्टोंबर २०१८
आश्विन २५, १९४०

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक दसऱ्यांच्या शुभ प्रसंगार हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशांत म्हणटा, भारत देश आपली संस्कृती आनी तरेकवार उत्सवां खातीर फामाद आसा. देशांत वर्सभर वेगवेगळे उत्सव मनोवपात येता आसले तरी दसरो हो तांच्या मदलो एक चड म्हत्वाचो उत्सव आसा. दश आनी हरा ह्या दोन उतरांतल्यान “दशेहरा” हे उतर आयिल्ले आसा. धा चो पराभव वा अदृश्ट पयस करपी असो ह्या दोन संस्कृत उतरांचो अर्थ जाता. णव दिसांचो नवरात्री उत्सव सोंपता आनी दुसरे दिसा दसरो जाता. नवरात्रौत्सवाच्या दिसांनी देवी दुर्गा मातेची वेगवेगळया णव रूपांत पूजा करतात. श्रीरामान दुश्ट रावणाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण हो दीस मनयतात. नवरात्री उत्सव म्हळयार वायट आनी क्रूर स्वभावाचो नाश जावन जीणेच्या सगळया मळार तशेंच आमच्या खुशालकाये खातीर योगदान आशिल्ल्यो गजाली आनी वस्तूनींय भावार्थ वाडिल्ल्याचे प्रतिक आसा. मोठ्या उत्साहान, खुशालकायेन आनी अध्यात्मिक भावनेन मनोवपात येवपी दसरो हो आमच्या देशांतलो एक खाशेलो उत्सव आसा. दसरो हो सण सदगुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. आयच्या काळा प्रमाण जेन्ना मानवी समाज हिंसा, दुस्वास, स्वार्थ, बेशिस्त अशा सुमारा भायर वायट प्रवृत्तींनी दुशीत जाल्लो आसतना भावपण, शांतीकाय, परस्पर समजीकाय आनी एकजूटीचो सदाचार सांबाळून तो आनीक मजबूत करपा खातीर आमी दसऱ्याचो उत्सव सहकार्य आनी उमेदीच्या भावनेन मनोवप म्हत्वाचे आसा. मनशाची खरी खुशालकाय आनी भरभराट ही न्हय फकत आर्थिक विकासातल्यान साध्य करप शक्य आसा, जाल्यार समाजांत शांतीकाय, भरभराट आनी खुशालकाय हाडपा खातीर अध्यात्मिक मुल्यां आनी मानवी सदगुण आत्मसात करपाची गरज आसा. ते खातीर आमी आमच्या समाजात मोग, दया-माया, सोशींकपण आनी आपले पणाची भावना वाडोवपाक समर्पित जावया, जी ह्या उत्सवाचो सार जावन आसा.

दसऱ्याचो सण प्रत्येकाच्या जिणेंत नवी उमेद, भरभराट आनी शांतीकाय घेवन येवं, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात फुडें म्हणटा.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१६६६